॥ अथ श्रीसाईसच्चरीत ॥ अध्याय १६ ॥

॥ श्रीगणेशाय नमः ॥ श्रीसरस्वत्यै नमः ॥ श्रीगुरूभ्यो नमः ॥ श्रीकुलदेवतायै नमः ॥ श्रीसीतारामचंद्राभ्यो नमः ॥ श्रीसद्‌गुरूसाईनाथाय नमः ॥ राजाधिराज चक्रवर्ती । शांतीशिंवासनाचेर बशिल्ली मुर्ती । वंदुया सूख साम्राज्याच्या अधिपती । आनीक ना कोण गुरूराज ॥१॥ अभेदभक्ती सहजस्थितींत । दोनांय वटयां चंवऱ्यो ढाळटात । स्वता अनुभुती सध्या अणभवतात । घालतात वारो जाका आदरान ॥२॥ छत्रधारी स्वता आत्मस्थिती । भालदार [१]शांतीसंवित्ती । षडरिपु मायामोहवृत्ती । थंय तगनात खीणभर ॥३॥ कितलो हे सभेचो थाट । चार स अठरा [२]भाट । चिन्मय [३]चांदवा लखलखाट । पातळळा प्रचंड ब्रह्मानुभव ॥४॥ विरक्ती भक्ती शुद्ध ज्ञान । श्रवण मनन निदिध्यासन । निजानुसंधान साक्षात्कारण । अष्टप्रधान सेवारत ॥५॥ शांती दान्ती दिव्यमणी । चकचकतात जाच्या गळ्यांत आभुशणीं । वेदान्त सागर अमृत [४]तरंगिणी । म्होंवाळ वाणी जाची ॥६॥ लखलखता जाची तेजपुंज धार । करपाक ते गिन्यान तरसादीचो वार । पळोवन जाचो हात तत्पर । कांपता थरथर भववृक्ष ॥७॥ जय निरंजना [५]अव्यया । गुणातिता योगीराया । परोपकारा खातीर धरल्या ही [६]काया । करपाक उद्धार गरिबांचो ॥८॥ फाटल्या अध्यायांत निरुपण । भक्तीभावार्थ करून पूर्ण । पावोवन ताणें केल्ली आंगवण । दाखयली खूण मनाची ॥९॥ सद्‌गुरू सदा अवाप्तकाम । शिश्य कसो पुरवी तत्काम । शिश्यांचोच सेवाकाम । करता [७]निश्काम पूर्ण करून ॥१०॥ भक्तीन ओंपतकूच फूल पान ।

१. स्नेह. २. तुस्त गावपी. ३. ज्ञानस्वरुपाचो. ४. न्हंय. ५. शाश्वत. ६. कूड. ७. फळइत्शे विरयत.

तितल्याच प्रेमान करतलो सेवन । तेंच ओंपतकूच अहंकारान । घुंवडायतलो मान थंयच ॥११॥ सच्चितसुखाचे जे सागर । तांकां बाह्य उपचारांत कसलो आदर । मात तेंच करतकूच भावार्थान सादर । सौख्य खात्रेन करतात सेवन ॥१२॥ नेणारपणाचें पांगरूण । घेवन अज्ञान दिताले ज्ञान । करिनासतना मर्यादेचें अतिक्रमण । गोड शिकवण ते दितात ॥१३॥ भावार्थान केल्यार तांची सेवा । सेवक खात्रेन मुक्तीक पावता । हेर सगल्या साधनांनी जेन्ना फटवता । लीन जावचें तेन्ना गुरुसेवेंत ॥१४॥ ते सेवेचें मातशें घाळपण । वा थंय चडूच [१]शाणेपण । केल्यार साधक पडटलो त्रासांन । विस्वास पांयांचेर आसूंक जाय ॥१५॥ शिश्यान कितें करचें स्वता । सद्‌गुरूकूच आदाराक घेतल्यार जाता । शिश्याक आपले त्रास खबर नासतात । नकळत करता उपाय सद्‌गुरू ॥१६॥ गुरू सारको आनीक दाता । मेळचो ना ब्रह्मांडांत सोदतां । शरण्याचो परम शरणदाता । अनन्य शरण वचुया ताका ॥१७॥ उपमा दिवंक गेल्यार चिंतामणीक । चिंतामणी दिता चिंतप्याक । गुरू दितलो [२]अचिंत्य वस्तूक । परम अजापान भक्ताक आपल्या ॥१८॥ तुळपाक गेल्यार [३]कल्पतरूक । तो ती दिता कल्पना करप्याक । दितलो निर्विकल्प स्थितीक । कल्पने भायली गुरूराय ॥१९॥ [४]कामधेनू इत्सा पुरवी । गुरूधेनूची तिचे परस थोरवी । अचिंत्यदानी अशी ही पदवी । कोण मिरयता तिचे बगर ॥२०॥ आतां श्रोत्यांक हेच निवेदन । फाटल्या अध्यायांत करतां म्हणिल्लें कथन । ब्रह्मार्थियाक ब्रह्मज्ञान मेळून । कथासंगती आयकात ॥२१॥ ब्रह्मज्ञानाचो आयल्यार [५]भोक्ता । बाबा कशी करताले तृप्तता । कशे उपदेश दीत आपल्या भक्ता । त्या परमार्था आयकात तुमी ॥२२॥ संत सदांचे निश्काम । सकल

१. 'चतुराई' - हें बाबांचें उतर. हाचो अर्थ शाणेपण. ''चड चतुराई बरी न्हय, श्रेश्ठ वा जाणटे सांगतात तें आयकुचें,'' अशें बाबा आपल्या भक्तांक परत परत सांगताले. २. चिंतूंक नाशिल्ले. ३. इत्शीत वस्त दिवपी रूख. ४. इत्शीत वस्त दिवपी गाय. ५. इत्सूक.

परिपूर्ण अवाप्तकाम । पूण भक्त भोव [1]सकाम । अतृप्त तो सदांच ॥२३॥ कोण मागता पुत्रसंतती । कोण अखंड राज्यसंपत्ती । कोण मागता भावभक्ती । संवसार निर्मुक्ती ॥२४॥ असोच एक भावार्थी भक्त । पूण सदांच धना फाटल्यान व्यस्त । आयकून बाबांची व्हड कीर्त । दर्शना खातीर आयलो ॥२५॥ गडगंज संपत्ती जरी घरांत । सेवेक दासदासी उपाट । दर्शन घेवचें आयलें मनांत । उदार मुर्ती श्रीसाईंचें ॥२६॥ बाबा व्हडले ब्रह्मज्ञानी । साधुसंतांचे मुकुटमणी । मस्तक दवरुया तांचे चरणीं । करणी जांची अगाध ॥२७॥ ना आपणाक कसलीच [2]वाण । मागुया तांचे कडेन ब्रह्मज्ञान । मेळत जाल्यार हें साधन । जातलों धन्य धन्य हांव ॥२८॥ मागीर ताका इश्ट सांगीत । सोंपें न्हय ब्रह्म जाणप । तुजे सारक्या आशेखोराक मेळप । जातलें कुस्तार बरेंच ॥२९॥ धन घरकान्न पूत इतलेंच । नकळो जो आनीक कितेंच । ताका ब्रह्म हो फकत भ्रमूच । कसलो सुसेग दितलो ॥३०॥ इंद्रियशक्त जातकूच [3]क्षीण । जगांत कोणूच दिनात मान । तेन्ना बेकार थवय बेठेच बसून । सूत कांत्तात ब्रह्माचें ॥३१॥ तशी ही तुजी उमळशीक ब्रह्माची । पयसो मोडिनासतना मेळोवपाची । कोणाच्यानूच ती ना जावची । करपाक पूर्ण केन्नाच ॥३२॥ आसूं, अशी इत्सा धरून मनांत । भावार्थी तो गेलो शिरडींत । परतीच्या भाड्याचो टांगो करून । पावलो चरणां कडेन श्रीसाईंच्या ॥३३॥ घेतलें साईंचें दर्शन । केलें तांच्या चरणांक वंदन । साईंनी मागीर म्होंवाळपणान । सांगलें तें आयकात श्रोत्यांनो ॥३४॥ हो साई कथाकल्पतरूवर । चित्त शुद्धतायेन आयकल्यार । वाडटलो जेन्ना श्रोत्यांचो आदर । प्रसवतलो तेन्ना फळाभारान ॥३५॥ रसभावान सर्वांगी भरतलो । सुगंधपुष्पी तो फुलतलो । म्होंवाळ फळाभारान लवंडतलो । जातली इत्सापुर्ती इत्सुकांची ॥३६॥ म्हणलें [4]ताणें ''बाबा ब्रह्म दाखयात । आयलां हेंच

१. आस्त धरपी. २. उणाव. ३. दुर्बळ. ४. ब्रह्म जाणपाक सोदपी त्या भावार्थ्यान.

धरून मनांत । शिरडीचे बाबा ब्रह्म दाखयतात । रोखड्यारोखडें म्हणटात लोक ॥३७॥ म्हणुनूच इतलों पयस आयलां । वाट चलून भोव थकलां । ब्रह्माचे आशेक भोव भुकेलां । मेळ्ळ्यार धन्य जातलों हांव'' ॥३८॥ बाबान म्हणलें ''करूं नाका चिंता । ब्रह्म दाखयतां रोखडें आतां । हांगा ना उदारीची वार्ता । दुर्मीळ विचारपी तुजे सारके ॥३९॥ लोक मागतात धनसंपदा । म्हणटात घालयात रोग [१]आपदा । मागतात लोकीक मान राज्यपदां । आस सुखाची तांकां सदांच ॥४०॥ फकत ऐहीक सुखाक लागून । लोक येतात शिरडीक धांवून । म्हजें फकिराचें करतात भजन । ब्रह्म मागिना एकलोय ॥४१॥ तशांची म्हजे कडेन गर्दी भोव । तुजे सारक्यांचोच उणाव । ब्रह्मजिज्ञासूंचो भुकेल्लों हांव । पुण्यकाळ म्हाका हो ॥४२॥ जाका भंय ब्रह्मवस्तूचें । नेमान चलप सूर्यचंद्राचें । उदेवप अस्तप नेमान तांचें । उजवाड चान्नें नेमान ॥४३॥ गिमाळो–वसंत असले ऋतूकाळ । इंद्रा सारके देव [२]लोकपाल । नेमान करता जो प्रजेचो सांबाळ । त्या सगल्यांचें मूळ तें ब्रह्म ॥४४॥ म्हणुनूच शरीरविस्रंसना आदीं । गिन्यानी मनीस ब्रह्मपुरुशार्थ सादी । ताचे बगर पुनरावर्तन [३]निरवधी । लागतलें अनिर्बंध फाटीक ॥४५॥ तें हें ब्रह्म जाणले वीण । जालें जरी शरीर पतन । फाट सोडचें ना संवसार बंधन । पुनर्जनन चुकना कशेंच ॥४६॥ ब्रह्मूच कित्याक हांव तुका सगलें । दाखयतां पळय [४]ब्रह्मगुंडाळें । जें तुका कूडभर रेवडायतलें । तें हांव अदीक करतां स्पश्ट'' ॥४७॥ कितली ती म्होंवाळ वाणी । फकत अद्वैतसुखाची [५]खणी । दुबावान पोखरल्यात जे प्राणी । तांच्या उद्धाराक समर्थ ॥४८॥ खीणयाळ्या सुखा फाटल्यान । दीसरात जे रावतात घुसपटून । तांकांय बाबांचीं उतरां मार्ग दाखोवन । योग्य चरणां कडेन धाडटात ॥४९॥ चिंतामणी प्रसन्न जातकूच । लोकीक सूख मेळटलें हाताक । मेळटली सत्ता सर्गसंपत । जातकूच

१. अरिश्टां. २. राजा. ३. सतत. ४. जाचे भितर ब्रह्म धरून सगलें आसा अशी वस्त. ५. खण.

प्रसन्न [1]महेंद्र ॥५०॥ हाचे परस गुरूची अलोकीकता । गुरूसारको ना दाता । दुर्लभ ब्रह्म भक्तांक दाखयता । जालो जाल्यार सुप्रसन्न ॥५१॥ ताची गोड कथा आयकल्यार । पडटलो संवसार दुख्खांचो विसर । ब्रह्मार्थियांक कशें शिकोवप । तेंय कळटा बाबांक ॥५२॥ आसूं, मागीर ताका बसयलो । खीणभर हेर कामांत घुसपायलो । जशें त्या प्रस्नाचें भानूच विसरलो । अशें ताका दाखयलें ॥५३॥ मागीर बाबांनी उलो मारून । भुरग्याक एका हाडलो आपोवने । पावय म्हणलो रकाद व्हरून । धाडलो ताका [2]नंदू कडेन ॥५४॥ उश्णे जाय रुपया पांच । बाबांक आसा गरज सामकीच । दितां परत म्हूण रोखडेच । दिवंक सांग ताका बेगोबेग ॥५५॥ भुरगो गेलो घरा नंदूच्या । खिळी घाल्ली दाराक ताच्या । येवन परत भुरग्यान त्या । सांगली खबर ती बाबांक ॥५६॥ परत वच म्हणलें बाबान । आसतलो बाळा [3]वाणी घरा कडेन । तोच रकाद ताका सांगून । म्हणलें हाड रुपया मागून ॥५७॥ फुकट गेली खेप तीय । नासलो घरा बाळा वाणीय । भुरग्यान येवन खबर तीय । सांगली जशीच्या तशी बाबांक ॥५८॥ आनीक एक दोन कडेन । धाडलो त्या भुरग्याक बाबान । थकलो तोय धांव धांवून । गेल्यो फुकट खेपो सगल्यो ॥५९॥ नंदू जावं बाळा वाणीय । नासलो घरांत कोणूच एकलोय । बाबांक आसली ही पक्की जाणीव । पूर्ण अंतर्ज्ञानी श्रीसाई ॥६०॥ साई चलपी उलोवपी ब्रह्म जशें । पांच रुपयांक अडत कशे । पूण त्या ब्रह्मार्थ्या खातिरूच तशे । नवलाय ही मांडीत ते ॥६१॥ सोयरो येतकूच घरांत । ताचे सरबराये पासत । च्या-शिरो जो करतात । हेरांकूय लाभ मेळटा ताचो ॥६२॥ तशें फकत निमताक । करून मुखार त्या ब्रह्मभोक्त्याक । म्हाराजांचो उपदेश हेर भक्तांक । कल्याणा खातीर सगल्यांच्या ॥६३॥ रुपया अडेजश्यांचें । बंडल आसलें नोटींचें । बोल्स भरिल्लें ब्रह्मार्थ्याचें ।

१. इंद्राचें एक नांव. २. ह्या नांवाचो शिरडींतलो एक मारवाडी पसरकार. ३. ह्या नांवाचो एक पसरकार.

जाणीव ताचीय श्रीसाईंक ॥६४॥ ब्रह्मार्थ्याक कितें हें कळनासलें । वा नासले ताका दोळे । आसुनूय बोल्सांत रुपया इतले । नडलें ताका हिमटेपण ॥६५॥ साईंक पांच रुपया उदार । ते पसून खीणभरा खातीर । दिवपाचो ताका जालोना धीर । आनी आयिल्लो मागपाक ब्रह्मसाक्षात्कार ॥६६॥ साईम्हाराज सत्यवचनी । रक्कमूय ल्हान हातउश्णी । दिवची अशें दिसतनाच मनीं । आंखुडटा हात दुबावान ॥६७॥ पांच रुपयांचें मोल तें कितलें । तेय दिवपाक जिवार येता इतलें । अशा काटक्याचें कशें जातलें । लोभाचीच मूर्त उरता तो ॥६८॥ हेर कोणूय बावडो भोळो । जाका बाबांचो खरो लळो । उश्णे मागपाचो तो सुवाळो । पळोवचो नासलो असो केन्नाच ॥६९॥ ब्रह्मार्थी जो इतलो तानेल्लो । ताका हो प्रस्न नासत व्हय सुटिल्लो । हाचो म्हाका दुबाव मारलो । पूण गिराशिल्लो ताका धनलोभान ॥७०॥ सुसेगाद बसचें तेंय ना । वचपाची ताकतीक ताच्या मना । म्हणलें ताणें बाबांक तेन्ना । ब्रह्म दाखयात न्हय साई ॥७१॥ बाबांनी म्हणलें ''बशिल्ले कडेन । ब्रह्म दाखोवपाचे अशे तरेन । केले पळय उपाय इतले मेरेन । कळळेच नात व्हय तुका ते? ॥७२॥ ब्रह्मा खातीर पंचप्राण । पांच पंचेंद्रियज्ञान । अहंकार बुद्धी मन । पूर्ण ओंपचीं पडटात ॥७३॥ ब्रह्मज्ञानाचो मार्ग बिकट । सोंपो न्हय सगल्यांक सरसकट । सकाळ जातनाच तें प्रकट । मेळटा अचकीत सभाग्याक ॥७४॥ ब्रह्मपदा मेरेन । भरभराटिंतूय जो विरक्त पूर्ण । तोच ब्रह्मविद्येक अधिकृत जावन । अनासक्त हेर कडेन ॥७५॥ आंगांत ना विरक्ती इल्ली पसून । असल्यांक ब्रह्मतत्व उपदेश करतलो म्हूण । कोणेंय कितलोय केलो जरी यत्न । येस कशें ताका मेळटलें ॥७६॥ अबाधीत ब्रह्मबोधन । योग्य अधिकाऱ्या कडल्यानूच ग्रहण । पूण मध्यम अधिकारी जन । ताब्यांत परंपरेच्या सदांकाळ ॥७७॥ एकल्याक विहंगम मार्गसेवन । दुसऱ्याक [१]परंपरा सोंपण । पूण ह्या अधिकार नाशिल्ल्याक लागून ।

१. शास्त्रान मान्यताय दिल्ल्या क्रमा प्रमाण चलप.

व्यर्थ शीण तो ब्रह्माचो ॥७८॥ एक आत्मविवेक नाशिल्ल्यान । ना विलक्षण प्राप्तीसाधन । हें जरी सत्य वेदान्तवचन । तें कसलें आधीन सगल्यांच्या ॥७९॥ करपाक अभ्यास आनी कश्ट । हाडांचीं काडां करचीं पडटात । तेन्नाच गुरूकृपेच्या उजवाडांत । मेळटात हाताक ते हळू हळू ॥८०॥ हांवूच नियंता हांवूच ईश्वर । ब्रह्मदेवाक जेन्ना चडटा अहंकार । स्वरुपाचो पडटा विसर । [१]प्रादुर्भूतताय विश्वाची ॥८१॥ 'ब्रह्माहमस्मीति' जातकूच ज्ञान । ज्ञाता जाता स्वरुपांत लीन । तेन्नाच विश्व आभास विसर्जन । कान रावता करीत गर्जन ॥८२॥ जातकूच स्वप्नबोध उत्पत्ती । ब्रह्माकारांतःकरणवृत्ती । ब्रह्म उज्यांत विश्वाची आहुती । जाता [२]विभुती सृश्टीची ॥८३॥ जिवांचीय अशीच स्थिती । जाता जेन्ना भ्रमनिवृत्ती । दोरी किरण आनी [३]शुक्ती । मुकता आभासाक तत्काळ ॥८४॥ शुक्त्यज्ञान तेंच रुपें भान । रुपेंज्ञान तेंच शुक्तीज्ञान । भ्रमनिवृत्ती काळांत रुप्याचें [४]अवसान । शुद्ध शुक्तिका विज्ञान ॥८५॥ परस्पर मोहाचें हें लक्षण । ज्ञानदिपाचें करात [५]उजळण । अज्ञान मळ उडयात ध्रुवन । निर्दाळण त्या प्रतिभासाचें ॥८६॥ जल्म-मरणाचो नासतना बंध । आसतलो कित्याक मोक्षनिर्बंध । वेदान्ता कडेन आमचो कसलो संबंध । मागीर हो प्रबंध कित्याक ॥८७॥ आसां हांव बद्ध जावचें निर्मुक्त । असो जो दृढनिश्चेव [६]आसक्त । तोच हांगाचो अधिकारी फकत । उपकारना ज्ञानी वा पूर्णज्ञानी ॥८८॥ बद्धूच ना खंयची मुक्ती । ही सामकी वस्तुस्थिती । बद्धमुक्तताय आसा [७]गुणसंगातीं । आसा अणभव सगल्यांक ॥८९॥ [८]द्वितियांचो उणाव जंय । बांदता सोडटा कोण कोणाक । कोणूच ना बद्ध वा मुक्त थंय । द्वैत-अद्वैतांत गेलें जाल्यार ॥९०॥ दीसरात हे प्रकार । निर्मिता व्हय दिनकर । हो तर

१. उत्पत्ती. २. लय. ३. मोतयांची शिंपी. ४. म्हणल्यार रुप्याची अखेर जाता. ५. पाठांतर. ६. तल्लीन. ७. सत्व, रज, तम ह्या तीन गुणां कडेन समागम जालो म्हणटकूच. ८. भयं द्वितीयाभिनिदेशतः स्यात्.

दिश्टीदोश वेव्हार । दिवाकर [१]अलिप्त ॥९१॥ हांव कर्ता हांव एक भोक्ता । हो अभिमान धरून चित्ता । सर्ग–नरक सूख–दुख्ख अणभवता । वाडटा वान्सा आसक्तताय ॥९२॥ आत्मो नित्य पुराण शाश्वत । जल्मनाशा असले विकार वर्जीत । ॐकार [२]अक्षराप्रतीकवंत । अनादी जो अनंत अखंड ॥९३॥ जाची [३]शरीरमात्रात्मदृश्टी । स्वता वेगळो वेगळी सृश्टी । ताका आत्मज्ञानाची कश्टी । [४]परामर्ष मेळना ॥९४॥ वाणी सारक्या इंद्रियांचो लय । करात मनांतल्यान जायात [५]कृतनिश्चय । त्या मनाचो करात [६]क्षय । घेवचो थाव बुद्दीचो ॥९५॥ प्रकाशा भशेन जे ज्ञानबुद्दी । मनाची थंय लायात समाधी । मना सयत इंद्रियांची समृद्धी । एके बुद्दीच्या ताब्यांत ॥९६॥ मडकेचो मुखेल घटक माती । तशीच इंद्रियांक बुद्दी । ते तांची नित्य स्थिती । अशी ही व्याप्ती बुद्दीची ॥९७॥ बुद्दी जावन स्वता व्यापक । व्यापता मना असल्या सकल इंद्रियांक । ओंपता ईश्वरतत्वांत बुद्दीक । व्हड समर्पण आत्मतत्वांत ॥९८॥ असोच करतकूच [७]समाहार । जाता आत्मस्वरूप निर्धार । मागीर रुपें मृगजळ सोरपाचो आकार । नदरेचे ते दोश फकत ॥९९॥ तो हो अशेष–विशेषरहीत । जल्म [६]अपक्षय विवर्जीत । यद्दर्शना बगर ना स्वहीत । साधू सेगीत सांगतात ॥१००॥ कार्यमात्रा आसा कारण । आत्मो स्वयंभू [८]निश्कारण । 'पुराऽपी [९]नव' हो पुराण । बुद्दीहीन सभावान ॥१०१॥ आकाशवत अविच्छिन्न । जल्म विनाश हांचे पलतडीन । 'ॐप्रणव' जाचें [१०]आलंबन । [११]निरालंबन निस्तेज जो ॥१०२॥ परब्रह्म तें जाणपाक योग्य । अपर ब्रह्म तें मेळोवपाक योग्य । ॐ तत्प्रतीक ध्यान करपाक योग्य । उपसितव्य सदांच ॥१०३॥ सगल्या वेदांचें जें सार । प्रणव स्वरूप तोच ॐकार । ताचो सार्थ जो निर्धार ।

१. वेगळो. २. अवयव, निशाणी, प्रतिमा. ३. कूड होच आत्मो अशी जाची नदर आसा तो. ४. वासपूस. ५. ठाम निर्धार. ६. नाश. ७. समुदाय.
८. कारणा बगर, व्यर्थ. ९. आदींय नवो, त्रिकाल अबाधीत. १०. आदार, आश्रय. ११. आदाराबगर.

तोच विचार महावाक्याचो ॥१०४॥ वेद स्वता जें सांगतात । जें खर कश्टांनी लोक संपादतात । ते प्रमाण ब्रह्मचर्यान वागतात । म्हणटात ताका ॐपद ॥१०५॥ आसूं, त्या पदाचो आक्रम । करपाक गेल्यार जरी दुर्गम । तरी तें अभ्यासपाक सुगम । जातकूच गुरुकृपा परम ॥१०६॥ इंद्रियां मदलीं जीं स्थूल परम । थंयच्यान धरतकूच अनुक्रम । आदरतकूच सुक्षीम तारतम्यक्रम । मेळटा अविश्रम साधकाक ॥१०७॥ तें हें ॐकाराचें अक्षर । सकल तपाचें जें सार । उच्चारमात्रेन स्फुरता अर्थसार । साक्षात्कार आवर्तनान ॥१०८॥ [१]अविपरिलुप्त चैतन्य । वाड नाश विकार शुन्य । असो आत्मो जाणटलो तो धन्य । भक्त अनन्य सद्‌गुरूचो ॥१०९॥ अध्यात्म अधिभूत अधिदैव । अशा तापांनी जे तापल्यात सदैव । तें कशें भोगतले हें सुदैव । वैभव हें एक संतांचें ॥११०॥ अज्ञानांतल्यान जल्मता [२]संसृती । ताचे पसून मेळपाक निवृत्ती । साधन जें ब्रह्मात्म एकत्ववृत्ती । ताची प्राप्ती ह्या जाग्यार ॥१११॥ विशयकल्पनाशुन्य स्थिती । ''अहं ब्रह्मास्मीति'' वृत्ती । ह्या महावाक्याचे आवृत्ती । बुद्‌दीप्रवृत्ती जातली जेन्ना ॥११२॥ गुरूवचनशास्त्र [३]प्रचिती । अंतर्बाह्य करणवृत्ती । मना सयत मेळून विश्रांती । आत्मज्ञान मेळटलें तेन्ना ॥११३॥ तेन्नाच यथार्थ दर्शनप्राप्ती । विशय अर्थ असल्यो जड निवृत्ती । तुट्‌टा अज्ञाना सारक्यो हृदयग्रंथी । जाता अव्यक्तांत निमग्न ॥११४॥ कवडशांतलो अतिसुक्षीम कण । ताचे परसूय सुक्षीम प्रमाण । त्या अणुपरसूय [४]अणीयान आत्म अनुमान–निर्धार ॥११५॥ व्हडांत व्हड ब्रह्मांड । ताचे परसूय आत्मो व्हड । पूण हें सगलें [५]सापेक्ष प्रमाण । आत्मो प्रमाणा भायलो ॥११६॥ सुक्ष्मत्वान '[४]अणोरणीयान' । म्हत्व ताचें महत्परिमाणवान । ह्यो फकत नाम रूप असल्यो उपाधी जाण । आत्मो परिपूर्ण उपाधी वीण ॥११७॥ आत्म्याक ना जल्म मरण । ना ताका मूळ कारण । ईश्वर–

१. सर्वव्यापी. २. जल्ममरण, संवसार. ३. अणभव. ४. सुक्षिमांतलो सुक्षीम. ५. अपेक्षा धरून केल्लें.

नित्य-शाश्वत-पुराण । सहज निश्चिती कुस्तार ॥११८॥ 'ॐकार' प्रतीक जें ब्रह्म । तेंच ताचें स्वरूप परम । [1]आगमनिगमांकूय दुर्गम । तें कसलें सुगम सगल्यांक ॥११९॥ जाका समजूंक गेल्यार वेद थकले । तपस्वी वनवासी जाले । उपनिशदांनी हात [2]तेंकयले । जालोना अर्थबोध कोणाकूच ॥१२०॥ आत्मस्वरुपाच्या जाग्यार पावपाक । जाय अभेददर्शी आचार्यूच जावपाक । सुवात ना थंय दुबाव्यांक । हेरांचें सामर्थ्य कितलें ॥१२१॥ फकत दुबाव्याक ना थंय थारो । भ्रमांतूच घुंवतलो जसो भोंवरो । वेद-आचार्या बगर दुसरो । स्थीर जायना तत्त्वबुद्दी ॥१२२॥ स्वबुद्दीकल्पनेचे अनंत तारे । चुकयनात ते लक्षचौऱ्यांशीं फेरे । वेद-आचार्येंदु एकूच पुरे । मागीर काळखाचो उरना अंश पसून ॥१२३॥ हेरांक मेळना जें सोंपेपणान । तेंच मेळयतलो तो कश्टां वीण । जो दृढ रावता सद्गुरूच्या सांगातान । मेळटा ताका सद्विद्या ॥१२४॥ सकार्य अज्ञान जंय सरता । सच्चिदानंदस्वरूप स्थीर जाता । स्वस्वरुपाची स्थिती अवतरता । मोक्ष तिचें नांव दुसरें ॥१२५॥ हेंच जिवांचें व्हडलें [3]अभीष्ट । ते खातीर करतात भोव कश्ट । जें निरंतर ब्रह्मयोगनिश्ठ । अंतर्निश्ठ सदांकाळ ॥१२६॥ स्वरुपांत जातकूच चंचल । उठ्ठा विशायांची खळबळ । जालो म्हणटकूच स्वरुपांत निश्चल । येता वैफल्य विशयांक ॥१२७॥ स्वरुपांत जो रावता तोंड घुंवडावन । विशय ताका सदांच फुडो करून । तोच रावतकूच स्वरुपाच्या मुखार वचून । विशय तोंड घुंवडायतात ॥१२८॥ मोक्षमात्राचीच इत्सा करता । हेर कडेन इत्सा नासता । त्रिखंडांत तृष्णालेश ना धरता । तोच अधिकारी मोक्षाचो ॥१२९॥ उणो जो हातूंतल्या एका लक्षणान । [4]मुमुक्षू न्हय तो खात्रेन । तो फकत मुमुक्षूच्या रुपान । जसो एकाक्ष देखणो ॥१३०॥ अंहकार गळळे बगर । निर्मुलन लोभाचें जाले बगर । मनाची हद्दपारी जाले बगर । ब्रह्मज्ञान देंवना मनांत ॥१३१॥

१. वेदांचो निश्कर्श. २. शरणागती पत्करली. ३. इत्सा. ४. मोक्षाची इत्सा धरपी.

देहआत्मबुद्धी हीच [1]भ्रांती । बंधाक कारण आसक्ती । सोडात विशयकल्पना स्फुर्ती । ब्रह्म मेळटलें हाताक ॥१३२॥ निर्विशेश परब्रह्म । साक्षात्कार हें कठीण काम । सविशेश निरूपण हेंच वर्म । होच धर्म बुदवंतांचो ॥१३३॥ आत्मो गूढ सर्वांभुतीं । हें तत्त्व जाणटात वेदांती । तरी येवची सगल्याक अनुभुती । असो अणभव कसल्या योगान ॥१३४॥ आदीं गरजेची चित्तशुद्धी । तशेंच सुक्षीम कुशाग्रबुद्धी । तेन्नाच प्रगट्टा हो त्रिशुद्धी । कृपासमृद्धी स्वयमेव ॥१३५॥ आत्मो सदांच अविकृत । ब्रह्मज्ञानी तो शोकरहीत । तोच धीरवंत बुदवंत । भवनिर्मुक्त तो सदांच ॥१३६॥ हांगा चलना प्रवचनयुक्ती । वा ग्रंथ अर्थ धारणा शक्ती । वा वेदश्रुती–व्युत्पत्ती । चलना युक्ती कसलीच ॥१३७॥ आत्मो सदांच अविकृत । शरीर सदांच अवस्थिती विरयत । हें वळखून साधता जो स्वहीत । योग्यायोग्य तो जागरूक ॥१३८॥ आत्मज्ञानी सदांच निर्भय । ऐक्य एक अद्वितीय । दुजेपणाचो पुसलो ठाय । शोकनाश दृढ फळटलो ॥१३९॥ आत्मो जरी समजुपाक कठीण । जायना स्पर्श प्रवचनां आयकून । फकत बुद्दी करीत कितें म्हणून । तरीय समजुपाक सोंप्या उपायान ॥१४०॥ जो स्वता सामको निश्काम । आत्मज्ञान एकमात्र काम । असो जो आत्मया प्रार्थी [2]प्रकाम । ताकाच परम लाभ हो ॥१४१॥ आयकप बी काळांत ''तोच हांव'' आसां'' । अशे अभेददृश्टीन जो पळयता । हेंच ध्यान जाचें आसता । आत्मो अनुग्रहान स्विकारता ताका ॥१४२॥ सदां वायट कार्यांत आसक्त । अशांत आनी डळमळीत । एकाग्र ना जाचें चित्त । ताका हो मेळना ज्ञानिया ॥१४३॥ श्रुतीस्मृती–प्रतिपादीत । करता जो योग्य त्यागता अयोग्य । जाचें सदां एकाग्र चित्त । आत्मो गुलाम ताचो ॥१४४॥ वायट कामा पसून जो पयस वचत । आचार्य गुरूपदांचेर जो नम्र जायत । जाची फळ इत्सा [3]निवृत्त । ताकाच आत्मो प्राप्त

१. दुबाव, गोंदळ. २. भरपूर. ३. सोंपल्या.

हो ॥१४५॥ जायनासतना विशयांत निश्काम । जाले बगर फकत आत्मकाम । दिले बगर सकल वृत्तींक विराम । आत्माराम कठीण ॥१४६॥ पळोवन जिज्ञासूच्या तपा । स्वता आत्म्याकूच निर्माण जातली कृपा । तेन्नाच प्रगट करता निजस्वरुपा । गुरू बगर सोंपो न्हयच ॥१४७॥ तरी स्वरूप प्राप्ती खातीर साधकान । करचें श्रवण मनन चिंतन । अभेद भाव शुद्ध एकचित्तान । तरूच आत्मलाभ सुखाचो ॥१४८॥ प्रपंच हो अज्ञानमय सगलो । अज्ञानमुलक ताचो पसारो । ज्ञाना बगर मोक्षाक थारो । मात्तूय ना हें समजात ॥१४९॥ अनुमान आनी युक्तीप्रभव । हो तर शास्त्राचो अणभव । प्रपंच नाशांतूच ज्ञान उद्‌भव । असंभव हेर तरेन ॥१५०॥ महात्मो जावचो कित्याक पापात्मो । जिवात्मो तोच परमात्मो । हें वळखून वागतलो जो महात्मो । अभेद आत्मो तो एक ॥१५१॥ ब्रह्म आत्मएकत्व विज्ञान । हेंच ज्ञानाचें [1]पर्यवसान । एकदां जातकूच आत्मज्ञान । अज्ञान सगलें मावळटा ॥१५२॥ आत्मज्ञान जातकूच पूर्ण । उरना कितेंच जाणपाचें अपूर्ण । हातचो मळ कशी वस्तूजात संपूर्ण । साक्षात्कारता ताका ॥१५३॥ आत्मविज्ञानाचें फळ । संवसारनिवृत्ती [2]अविकळ । मेळटा परमानंद तत्काळ । सुकाळ ताका मोक्षाचो ॥१५४॥ आत्मो सुक्षिमा परस सुक्षीम जाण । प्रचंडा परस महाप्रचंड । हो तर सर्वव्यापकताय प्रकार । बुद्‌दी जाणीव करपाक ॥१५५॥ तो स्वता सुक्षीम ना प्रचंड । [3]तरतम भाव थंय कल्पीत । तो आब्रह्मस्तंबपर्यंत । व्यापून उरला चराचराक ॥१५६॥ तें हें अनिर्वचनीय [4]सत् । बुद्‌दींत जावपाक संकलीत । वाचेन करतात मर्यादीत । अमर्यादीत जें स्वता ॥१५७॥ फकत बुद्‌दीवैभवाच्या योगान । खरें वर्म लागना हाताक । साधू सद्‌गुरू संत संगतीन । प्राप्ती ताची सेवा कृपेन ॥१५८॥ ब्रह्मनिरुपणाचो ना उणाव । पोथयो पुस्तकांनी भरलां उपाट । पूण सद्‌गुरूकृपा जाले बगर । लागना हाताक कितेंच ॥१५९॥ दीसपट्‌ट्या

१. शेवट. २. संपूर्ण. ३. प्रचंडा परस प्रचंड. ४. अस्तितत्त्व.

कामांक लागून । शुद्ध संस्कारयुक्त जायना मन । मेळना ब्रह्मअणभव ते मेरेन । लागना हाताक कितेंच ॥१६०॥ ब्रह्म फकत नित्य । तें सोडून सगलें अनित्य । दृश्यजाता ना सातत्य । सत्य सत्य त्रिवार ॥१६१॥ ब्रह्म सांगपीय दुर्मीळ । तसोच कुस्तार आयकुपीय निर्मळ । प्रेमळ आनी अणभवशील । सद्‌गुरूय मेळप कुस्तार ॥१६२॥ ब्रह्म कितें वाटेर पडलें । दोंगरा घोलींनी जे जे दडले । उपास तपासांत जे घुसपले । तल्लीन जाले ध्यानधारणेंत ॥१६३॥ तांकांय जायनासतना गुरूकृपा । येना जें ब्रह्मरुपा । तें तुजे सारक्या ह्या लोभ स्वरुपा । स्पर्शतले बापा कशे तरेन ॥१६४॥ जांकां द्रव्याची व्हड आस्त । तांकां ब्रह्मज्ञान प्राप्त । जायना केन्नाच कल्पांत । गांठ निश्चीत बांदची ॥१६५॥ करतकूच परमार्थ श्रवण । करता विशयांचें चिंतन । आनी प्रपंचाचें [१]निदिध्यासन । मागीर साक्षात्करणूय तशेंच ॥१६६॥ मळ भ्रम आनी आवरण । अशा त्रिदोशांत अंतस्कर्ण । इत्सा सोडून केल्लें मळ निर्मुलन । भ्रम–[२]क्षालन उपासना ॥१६७॥ करतकूच स्वकर्म आनी उपासना । परिपक्वताय येता करप्याच्या मना । मळ–भ्रम निर्मळ जाता तेन्ना । उरता बाकी आवरण ॥१६८॥ तें हें सर्वानर्थबीज आवरण । कुसून वता मेळटकूच ज्ञान । रवी जातकूच प्रकाशमान । जाता निरसन काळखाचें ॥१६९॥ सत्यज्ञान अनंत अशां लक्षणीं । सांगलें जें वेदान्ततज्ज्ञांनी । तें ब्रह्म जाचो तोच लोकां मदीं । जातकूच ज्ञानी चकचकता ॥१७०॥ थोडें चान्ने थोडो काळोख । चलतालो वाटसूर रानांत एक । चोर समजून भियेलो एका खोडाक । लिपलो तो थंयसरूच ॥१७१॥ एकलो हांव हातांत पयसो । [३]तो टपला वाटमारो जसो । आतां करचो विचार कसो । भरवंसो ना जिवाचो ॥१७२॥ इतल्यान दिसलो उजवाड । तातूंत दिसलें तें खोड । पळळी मनांतली भिरांत । कळळी [४]आभासता चोराची'' ॥१७३॥ आसूं, आतां ह्या प्राप्ताक ।

१. एकाग्रताय. २. धुवप. ३. तें खोड. ४. भ्रम, भास.

सांगलें मदींच श्रोत्यांक । फुडल्या अध्यायांत [1]श्रेयार्थियाक । कल्याण पावतले निजरूप ॥१७४॥ हेमाड साईचरणांचेर लोळटा । तोंडाक येत तशें बडबडटा । साईकृपा जें जें [2]बरळता । आयकता भोळे भावीक तें ॥१७५॥ संतसज्जनांनो तुमच्या आशिर्वादान । रचिल्लो भक्त हेमाडपंतान । जय अणकारीत श्रीसाईसच्चरितांतल्यान । ब्रह्मज्ञान कथन नांवाचो हो सोळावो अध्याय सोंपता हांगाच ॥

॥ श्रीसद्‌गुरूसाईनाथार्पणमस्तु ॥ शुभं भवतु ॥

❍ ❍ ❍

१. बरी इत्सा धरपी. २. कित्याय कितें उलोवप.